# केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळात भरतीखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 07 डिसेंबर 2022

केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळात कॉन्स्टेबल/ट्रेड्समनची तात्पुरती पदां भरपाखातीर पात्र दादले आनी बायलां भारतीय नागरिकांकडल्यान ऑनलाइन अर्ज मागयल्यात. ह्या पदांखातीरचो वेतन स्तर-3 (रु. 21,700-69,100/-) असो आसा तशेंच केंद्र सरकार कर्मचाऱ्यांप्रमाण भत्तो लागू आसतलो. तांच्या नियुक्तीप्रमाण CISF कायदो आनी नेम तशेंच दळाच्या हेर सदस्यांप्रमाण केंद्रीय नागरी सेवा नियम लागू आसतले. तशेंच 01 जानेवारी 2044 दिसा वा त्याउपरांत केंद्र सरकारच्या सेवेत रुजू जावपी कर्मचाऱ्यांक लागू आशिल्ल्या निवृत्ती वेतन प्रणालीप्रमाण पेन्शन लाव मेळटलो.

भरती प्रक्रियेत शारीरिक चाचणी, आवश्यक दाखल्याची तपासणी, OMR आदारीत /संगणक आदारीत लेखी परीक्षा आनी वैजकीय तपासणीचो आस्पाव आसा.

ऑनलाइन अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 20 डिसेंबर 2022 रातची 11.00 वरांमेरेन आसा. अर्ज फक्त 'ऑनलाइन' पद्दतीन स्वीकारतले. इत्सुक उमेदवारांनी चड म्हायती खातीर www.cisfrectt.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/765

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji